Panaji Regional 21st November 2025 7.25am

निखील/रश्मी 250

राष्ट्राची गौरवशाली चित्रपट संस्कृताय तशेंच जागतीक सिनेमा प्रेक्षकांक आनी सिनेमा मोगींक दाखोवपा खातीर काल सावन भारतीय आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फी सुरु जालो. हो महोत्सव 28 नोव्हेंबर मेरेन चलतलो. हो आशियांतलो एक पोरनो आनी प्रतिश्ठीत चित्रपट महोत्सव. भारत आनी संवसारभरांतले चित्रपट निर्माते, कलाकार आनी चित्रपट मोगी एकठांय येतात.

उक्तावण सुवाळ्याक म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री एल.मुरुगन, मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, केंद्रीय वीज आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक, म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू, महोत्सव संचालक शेखर कपूर, कलाकार Nandamuri Balakrishna, अनुपम खेर, मनोज जोशी आनी फिल्म निर्मातो राकेश ओम प्रकाश मेहरा आशील्ले.

हे वेळार उलय्ताना माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाचे सचिव संजय जाजू हाणी इफ्फीच्या उक्तावण परेडाचें वर्णन भारताच्या सिनेमाच्या विविधतायेची परब मनवपी कार्निवाल अशें केले byte

भारत आपल्या "ऑरेंज इकोनॉमी मोमेंटांत" आसा, इफ्फी महोत्सव दीसान दीस खाशेलेपण हाडीत आसा,बरे सिनेमाचो सामग्री, सर्जनशीलता, संस्कृती माध्यमातल्यान भारतात बऱ्या दर्जाचे सिनेमा जातात अशें माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन हाणी हे वेळार उलैतना म्हणले. byte

गोयचे मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी मानेस्ताक आणि हेर लोकाक येवकार दिलो. गोयांक सिनेमामळावेले production hub आनी creative capital करपाची मोख दवरला अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री सावंत हांणी म्हणले byte.

उपरांत गोयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू उलयले. byte

हे वेळार भारतीय चित्रपटसृष्टीक दिल्ले योगदाना खातीर अभिनेते एन बालकृष्ण हांचो भौमान जालो. उपरांत जाल्या परेडांत 23 चित्ररथांनी वाटो घेतील्लो, तातूंत कार्निवाल आनी शिगमो दाखोवपी 11 गोंयचे चित्ररथ, आंध्र प्रदेश आनी हरियाणाचे सांस्कृतीक प्रदर्शन करपी आनी एनएफडीसीचो चित्ररथ आशील्ले. उक्तावणाच्या कार्यावळी उपरांत the blue trail हो ब्राझिलचो सिनेमा दाखयलो. अंदूच्या महोत्सवांत 81 देशांतले 270 वयर चित्रपट दाखयतले, तातूंत 13 संवसारीक प्रीमियर आसतले.

गणेश/सुशांत 70

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन आयोजीत केल्लें 26वें अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलन 22 आनी 23 नोव्हेंबराक ए. जे. हॉल, कल्लूर, एर्नाकुलमात जातलें. भारताच्या वेग वेगळ्या वाठारांतल्यान सुमार 700 प्रतिनिधी ह्या साहित्य संमेलनांत वांटो घेवपाचे आसात. परिशदेचें उक्तावण 22 तारखेक सकाळीं 10 वरांचेर नामनेचे लेखक आनी सरस्वती सम्मान पुरस्कारान सन्मानीत प्रभा वर्मा करतले. संमेलनाचें अध्यक्षपद नामनेचे कोंकणी लेखक माधव बोरकर सांबाळटले. राजभाशा संचालनालयाचे उपसंचालक अनील सावंत मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर रावतले.

SIR 70

खाशेल्या सघन पुनरावृत्ती म्हण्ल्यार SIR हे प्रक्रिये खाला सुरवाती सावन पुरायपणान नवी वेंचणूक वळेरी तयार करप ह्या मुखेल हेतान देशभरांतल्या एसआयआर प्रक्रियेची तारीख मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी जाहीर केली. ते खातीर पुराय देशभरा सयत गोयातूय BLO म्हण्ल्यार बूथ लेवेल अधिकारी घरा घरानी फिरून फोरमा वाटतात. हे विशी मतदारांनी गणनेचो फॉर्म सादर करचो आणि स्वच्छ, अद्ययावत आणि वेवस्थित मतदार वळेरी तयार करपाक मदत करची.

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 34 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 22 degrees celcius इतले आसतले.

DIP - 70

अखिल भारत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळावतीन बिहार सचिवालय खेळा फांवडेशन, बिहार हांच्या जोड पाटणात पालवान पाटलीपुत्र खेळा प्रकल्प, हांगा 13 ते 15 डिसेंबर 2025 मेरेन अखिल भारत नागरी सेवा एथलेटिक सर्त घडोवन हाडतले.

ह्या खेळां सर्तींत गोंय राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाक गोंय राज्य नागरी सेवा एथलेटीक पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान 22 नोव्हेंबर 2025 सांजेच्या 2.00 वरांचेर म्हापशें, पेडे खेळा प्रकल्प, निवड चाचणी आयोजीत केल्या.